Panaji

National News

21 March 2026,6.30pm

## राजनाथ सिंग

केंद्रीय संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगलां, संवसार संकश्टाच्या काळांतल्यान वता, जायत्या वाठारांनी संघर्श सुरू आसात. अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ले हल्ले फकत भारता खातीर न्हय तर पुराय संवसाराकय हुस्को करपा सारके आसात अशें तांणी मुखार सांगलें.अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या संघर्शाक लागून निर्माण जावपी उर्जा आनी अन्न संकश्टा विशीं तांणी उलयताना, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला आतां मेरेन देशाक अशा संकश्टां पासून चड करून राखण मेळ्ळा अशे म्हटला.

## रान दिसा

आयज आंतरराष्ट्रीय रान दिसा निमतान केंद्रीय पर्यावरण, रान आनी हवामान बदल मंत्री भूपेंद्र यादव हांणी रानां सांबाळून दवरपाचो उलो माल्ला . देशाचे उदरगती खातीर अर्थवेवस्था आनी पर्यावरण हांचे मदीं समतोल पद्दतीची गरज आसा हाचेर भर दिला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मंत्रांनी म्हणलें, रान म्हणल्यार फकत शोशण करपाची साधनसुविधा न्हय, तर ती राखून दवरपाक आनी तिगोवन दवरपाक जाय. देशाचे उदरगती खातीर अर्थवेवस्था आनी पर्यावरण हांचे मदीं समतोल पद्दतीची गरज आसा हाचेर भर दिला. देहरादूनांत रान दिसा निमतान आयोजीत दोन दिसांच्या राष्ट्रीय कार्यशाळेच्या उक्तावण सुवाल्याक ते उलयतले.येकवटीत राश्ट्रांच्या सार्वत्रिक सभेन 2012 वर्सा 21 मार्च हो आंतरराष्ट्रीय रान दीस म्हूण जाहीर केलो. ह्या दीसा सगळ्या प्रकारच्या रानांचें म्हत्व सांगतात आनी  रानाविशी जागृताय करतात.

## 'बायोफार्मा शक्ति'

भारताक जागतीक जैव वखदां उत्पादन केंद्र म्हूण स्थापन करपा खातीर सरकारान केंद्रीय अर्थसंकल्पांत 2026-27 वर्सा, ज्ञान, तंत्रज्ञान आनी नवनिर्माणांतल्यान भलायकी जतनाय उदरगतीची येवजण  आशिल्लो 'बायोफार्मा शक्ति'  उपक्रम प्रस्तावीत केला. फुडल्या पांच वर्सांत

वट्ट 10 हजार कोटी खर्च करून हो उपक्रम सुरू जातलो आनी जैव पदार्थ आनी जैव समान पदार्थांच्या घरगुती उत्पादनाक घटमूट पर्यावरण यंत्रणा तयार करपाचो हेतू आसा.

## तज्ञ समिती स्थापन

देशभरांतल्या  परकी जातींच्या वाडट्या पर्यावरणीय आनी समाजीक-आर्थीक धोक्यांचेर उपाय काडपाखातीर राष्ट्रीय जैव विविधताय प्राधिकरणान (एनबीए) आक्रमक परकी जातीविशीं तज्ञ समिती स्थापन केल्या. नॅशनल ग्रीन ट्रिब्युनलाच्या सुओ मोटू कार्यवाही उपरांत हो निर्णय घेतला, जातूंत थळाव्या जैवविविधताय, मुखेल पर्यावरण यंत्रणेक, शेतकी, अन्न सुरक्षा आनी मनीस आनी रानवटी जनावरांचे भलायकेचेर आक्रमक परकी जातीचे गम्बीर परिणाम अधोरेखित केल्यात.

## राष्ट्रीय सुरक्षा विद्यापीठ

राष्ट्रीय सुरक्षा विद्यापीठ आनी सशस्त्र सीमा दल  अकादेमीन राष्ट्रीय सुरक्षा प्रशिक्षण आनी मान्यताय वाडोवपा खातीर आनी राष्ट्रीय सुरक्षा उत्कृश्टताय मेळोवपा खातीर नवी दिल्लींत समन्वय पत्राचेर सय केल्या. राश्ट्रीय सुरक्षा मळार शिक्षणीक संशोधन आनी शिमेचेर राखण करपी दळांची वेव्हारीक, जमनीवयल्या गरजां मदलो फरक भरून हे सहकार्याचो हेतू आसा.

## जल शक्ति मंत्रालय

जल शक्ति मंत्रालय ह्या म्हयन्याच्या 23 तारखेक नवी दिल्लींत संवसारीक उदक दिसा निम्तान परिशद 2026 घडोवन हाडटळे .केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सी आर पाटिल आनी उद्देगांतले वरिश्ठ प्रतिनिधी सयत ह्या अधिवेशनाच्या उक्तावण सुवाल्याक हाजीर रावपाचे आसात. ह्या परीशदेंत सातशे पारस चढ प्रतिनिधी वाटेकार ज्जातले.

## ईद-उल-फितर

लद्दाखांत कारगिल जिल्ह्यांत धर्मीक भक्ती भवान आनी उमेदीन ईद-उल-फितर  परब मनयली .हजारांनी लोक जमून खाशेली ईद नमाज केलीमखेल सभाघरांतलीं प्रार्थना इंकिलाब मांझील आनी हुसेनी पार्कांत जालीं, थंय व्हड प्रमाणांत भक्तांनी वांटो घेतलो आनी संवसारांत शांतताय, एकचार आनी समरसताये खातीर प्रार्थना केली. आज देशभर ईद-उल-फितर निमतन तरेकवार कार्यावली सुरु आसात.

## भारतीय हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत बंगाल ,सिक्किम आनी ओडिशा हांगा, गाराच्या वादळा वांगडा गडगड येवपाचो अदमास अशिल्यान  ऑरेंज अलर्ट जारी केला.तशेंच फाल्यां मेरेन आंध्र प्रदेश, छत्तीसगड, मराठवाडा, कर्नाटक, तेलंगणा, अरुणाचल प्रदेश, उदेंत मध्य प्रदेश, विदर्भा, तमिळनाडू, पुडुचेरी हांचेर एकसुरे सुवातेर वीज आनी वादळी वारें वांगडा गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.आयज उपहिमालयाच्या अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमाचेर व्हड ते खूब व्हड पावस पडपाची खूब शक्यताय आसा अशें आयएमडीन सांगलां. मजगतीं, फाल्यां मेरेन केरळ आनी माहेचेर उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.